**कोंकण कृषी विद्यापीठ अभ्यासक्रम प्रवेशाखातीर प्रवेश परीक्षा सक्तिची**

ता. 17 जून 2022

गोंय सरकाराच्या कृषी संचालनालयान कळीत केला की, शिक्षणीक वर्स 2022-23 सावन डॉ. बाळासाहेब सावंत कोंकण कृषी विद्यापीठ, दापोली हांणी बी.एससी (कृषी) आनी बी. एससी (हॉर्टिकल्चर) पदवी अभ्यासक्रमाखातीर अर्ज करपी विद्यार्थ्यांक समान प्रवेश परीक्षा सक्तिची केल्या. डॉ. बाळासाहेब सावंत कोंकण कृषी विद्यापीठात बी.एससी (कृषी) अभ्यासक्रमात 11 आनी बी. एससी (हॉर्टिकल्चर) पदवी अभ्यासक्रमात 4 जागे गोंयच्या विद्यार्थ्यांखातीर राखीव दवरतात. ह्या अभ्यासक्रमात प्रवेश घेवपाखातीर गोंयच्या विद्यार्थ्यांनी ICAR वतीन घेवपात येवपी अखिल भारतीय प्रवेश परीक्षा (AIEEA) 2022 दिवपाक जाय. वयल्या अभ्यासक्रम प्रवेशाखातीर विद्यार्थ्यांची निवड ICAR च्या परीक्षेत PCM/PCB विशयात घेतिल्ल्या गुणांच्या आदाराचेर जातली.

ICAR-AIEEA (UG) अभ्यासक्रम 2022 खातीर नोंदणी करपा खातीर विद्यार्थ्यांनी www.nta.ac.in , http://icar.nta.ac.in ह्या वेबसायटीक भेट दिवची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/426

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji